President on Indian languages - 80

सगळ्यांनी हेर भासो शिकपाक जाय, पूण आवयभास विसरूंक फावना अशें राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज सांगलें. दरेकल्यान आपली भास सदांच मुखार दवरची. राष्ट्रपति मुर्मू आयज महाराष्ट्रांतल्या वर्धा हांगा जाल्ल्या महात्मा गांधी आंतरराष्ट्रीय हिंदी विद्यापिठाच्या 6व्या दीक्षांतकारांत उलयताल्यो. राष्ट्र निर्मितींत भारतीय भाशांचें म्हत्व सांगून ताणी सांगलें की आमी एक घटमूट, आत्मनिर्भर आनी विकसीत भारत तयार करपाक जाय आनी हें फकत भारतीय भासांच्या घटमूट बुन्यादीचेर शक्य आसा. 'राष्ट्रीय शिक्षण धोरण' सयत जायत्या उपक्रमांच्या मदतीन आमचो देश योग्य दिशेन वता अशें ताणी सांगलें.

PM Modi - 112

देशांतल्या 50 टक्के लोकांनी निर्णय घेवपाचे प्रक्रियेंत वांटो घेवपाची गरज आसा हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिला. देशाच्या उदरगतींत बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसा आनी धोरण तयार करपाक तांकां फावो तें प्रतिनिधित्व दिवप ही काळाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. नारी शक्ती वंदना कायद्यांतल्या घटनात्मक दुरुस्ती संबंदीत तीन म्हत्वाच्या विधेयकांचेर चर्चा करतना मोदी हांणी आयज लोकसभेंत हें मत मांडलें.

ह्या इतिहासीक कायद्याक राजकी रंग दिवचो न्हय, कारण ह्या कायद्याक लागून देशाच्या लोकशायेक फायदो जातलो अशें आवाहन प्रधानमंत्र्यांनी विरोधी पक्षांक केलें. आतां ह्या कायद्याक विरोध करपी लोकांक फुडाराक ताच्या परिणामांक तोंड दिवचें पडटलें अशें तांणी सांगलें. देशाची दिका आनी फुडार घडोवपाक हो कायदो म्हत्वाचो वांटो घेतलो अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलां.

India-Austria Talks- 54

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत ऑस्ट्रियाचे चॅन्सेलर डॉ. ख्रिश्चन स्टॉकर हांचेवांगडा बसकां घेतली. हे बसकेंत भारत आनी ऑस्ट्रिया हांचे मदीं कांय करार आनी कागदपत्रांचें आदान-प्रदान जालें, तातूंत अन्न सुरक्षा विशीं समन्वय पत्र (एमओयू), सहकार आनी लश्करी गजालीं विशीं हेतू पत्र (एलओआय), आतंकवाद विरोधी संयुक्त कार्य पंगडा विशीं हेतू पत्र हांचो आस्पाव जाता.

Nitin Gadkari- 79

बायलां आरक्षण विधेयकाचेर उलयतना केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें की हें बायलां खातीर इतिहासीक विधेयक थारतले. संसदेच्या आवारांत पत्रकारां कडेन उलयतना मंत्रीमंडळान हें देशाच्या इतिहासांतलें क्रांतीकारी विधेयक अशें म्हणलें. ताची अंमलबजावणी जाले उपरांत लोकशायेंत बायलांक समान संद मेळटली अशें मंत्री गडकरी हाणी  सांगलें.

विधानसभेंत बायलां खातीर सुवाती राखून दवरपाच्या विचाराक आपूण विरोध करीना अशें समाजवादी पक्षाचे फुडारी अखिलेश यादव हांणी स्पश्ट केलें. संसदे भायर पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी मतदारसंघ पुनर्गठन विधेयक कशे तरेन सादर जाता हाचेर हुस्को उक्तायलो.

Om Birla- 42

तमिळनाडूंतल्या कल्पकम हांगा देशी पद्धतीन तयार केल्या प्रोटोटाइप फास्ट ब्रीडर रिॲक्टरान क्रिटिकॅलिटीचो टप्पो गाठल्यान भारताच्या अणुऊर्जा कार्यावळींतल्या म्हत्वाच्या मार्गदर्शक तत्वाक आयज लोकसभेन येवकार दिलो. भारताच्या वैज्ञानिक प्रगती आनी तंत्रीक आत्मनिर्भरतायेच्या प्रवासांत ही एक म्हत्वाची कामगिरी अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी सांगलें. (BYTE)

Pakistan-  36

पाकिस्तानांत बलुचिस्तानांतल्या बोलन आनी दुकी कोळशाच्या खणींतल्या दोन वेगवेगळ्या खण अपघातांत पांच खणकामदारांक मरण आयलें. माच वाठारा लागसार आशिल्ल्या बोलन कोळसो खण वाठारांतल्या खणींत मिथेन वायू जमून तीन खणकामदार जमनीपोंदा आडखून पडल्यात अशी म्हायती अधिकाऱ्यांनी दिल्या.

Weather- 56

भारत हवामान खात्यान फुडले दोन दीस उदेंत मध्य प्रदेश, विदर्भ, उत्तर कर्नाटक, छत्तीसगड, तेलंगणा, अस्तंत मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी मध्य महाराष्ट्राच्या कांय वाठारांनी उश्णताय ल्हारांचो अदमास उक्तायला. फुडल्या तीन दिसांत अस्तंत बंगाल, ओडिशा, महाराष्ट्र, आंध्र प्रदेश, गुजरात, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, कर्नाटक, केरळ

आनी माहे या दर्यादेगेवयल्या वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा अशें हवामानखात्यान सांगला.

Sports- 34

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून लखनौ सुपर जायंटसाच्या पंगडाक पांच विकेटींनी हारयलो. आयज मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडांमदी मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर समानो जातालो.